Panaji regional news 01 .08.2025 7.20pm

## नर्सींग अभ्यासक्रम

प्रशिक्षीत खाजगी नर्सींची वाडटट्या मागणेचो प्रस्न सुटावो करपाखातीर राज्यांतल्या संस्थांनी आनी हॉस्पिटलांनी खाजगी नर्सिंग अभ्यासक्रम सुरू करचे असो उलो मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी केला. खाजगी नर्सी उणावा विशीं विधानसभेंत शुन्य वराक विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी विशय उपस्थीत केल्लो,सरकारान स म्हयन्यांचो खाजगी नर्सिंग अभ्यासक्रम सुरू केला. असो अभ्यासक्रम सुरू करपाक तयार आशिल्ल्या खंयच्याय संस्था वा हॉस्पिटलाक सरकार पुराय आदार दितलें अशें मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

## मुखेलमंत्री

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी शएतांनी काम करपी मनसबळ कमी जाल्यान ग्रामीण उदरगत यंत्रणेवरवी मनरगाचे जे कामगार काम करातता ,तांका शेतांच्या कामाखातीर उपेगात हाडपाविंशी विचार सरकार करता अशी म्हायती सभाघराक दिली. गोंयांत शेता रोयताता त्या जमनित उणाव जायत चल्ला ही बाब मुखेलमंत्र्यान मन्य केली. मात सध्या गोंयांत शेतकी पिकावळीचे प्रमाण वाडला,फलोत्पादन म्हामंडळाच्य वाढीव जाल्या शेतकी पिकावळीच्या उत्पादनावेल्यान ताचो अदमास येता अशे म्हणला. खजान सेती पुर्नजिवित्त केल्या उपरांत व्हडा प्रमाणात शेतकी पिकावळीत राज्यात वाढ जातली अशे मुखएलमंत्र्यान महणला. गोंयात शेता रोवपी पिढी आता कमी जाल्या, तरणाटे शएता रोवपाक येनात, सरकार गोंयची शेती तिगोवन उरपाखातीर , तशेच तरणाट्यांनी शेता रोवपाक मुखएरा येवचे म्हणून किते उपाय येवजणए केल्या काय असो प्रस्न आमदार रेजिनाल्ड लोरेंन्स हांणी सेतकी मत्री रवी नायक हांणी केल्लो. गोंयत लागपी २० टन भाजी शेजारच्य राज्यातल्यान खास करुन बेळगावातल्यान आजुनुय आयात करची पडटा अशे तांणी सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिल्ले. तशएचं वेगवेगल्या पिकावळीच मोल सराकारन वाडोवचे , तशे केल्यारुच गोंयकार शएता करपाक सोदतले अशे रेजिनाल्डान म्हणला. राज्यातली शेताची जमिन लोकांनी विकी न्ही, ती सामाळची , शेता कसची म्हण शेतकी खाते शेतकाराकं उर्बा दिता अशे ह्यावेळार शएतकी मंत्री रवी नायक हंणी म्हणला. ह्येवळार मुखेलमंत्र्यान यत्ता आठवी, णव्वी, आनी १० वेचया

विद्यार्थ्यांक शएतकी शिक्षण दितात, तशेच ११ आनी १२ वेच्या विद्यार्थ्यांक वोकेशनल अभ्यासक्रमावरवी शेतकी मळाचो विशय शिकवपाचो पर्याय आसा अशी म्हायती दिल्या. आमदार रेजिनाल्ड हांणी गोंयच्य अनुसुचित जमातीचे शएत कसपी शेतकाराक पिकावळीच्य प्रमाणा प्रमाण सरकारान १ लाख - ५ लाख रुपया मेरेन अर्थिक मजत दिवची, अशी मागणी केल्या.

**मानकुराद**

गोंयचो मानकुराद आंबो संसारभर फामाद , मात सध्याची परीस्थिती पळयत जाल्यार राज्यातली मानकुराद आंब्याची पिकावळ उणी जाला, शेतकी खाते दर वर्सा प्रत्येक मतदारसंघात काजु , कवाथे . आंब्याची, तशेंच फुलांचे आनी हेर झाडांची रोपा दितात, ह्या रोपामदी खास करुन मानकुराद आंब्याची कलमांचे वाटप झाडा वाटपाच् कार्यावळीदरम्यान जावचे अशी सुचोवणी आमदार केदार नायक हांणी केला. प्रस्नेत्रराच्य वेळार तांणी ही बाब सबाघराच्या नदरेक हाडुन दिला. जाल्यार शेतकारांक पिकावळीचें दिवपी हमीभावात वाढ करची ,तशेंच हातान रोपणी करपी करपाच्या शेताच्य कामाक त्रास जाता ताका लागुन शेतकी खात्यावतीन जे कृशी यंत्र दितात त्या मशिनाच्या वेळ देड वर तरी करचो अशी मागणी केदार नायक हांणी केल्या.

ह्यावेळार कृशी मंत्री रवी नायक हांणी कृशी यंत्राचो वेळ वाडोवन दिवापचे आस्वासन आमदार केदार नायक हंका दिला. जाल्यार मानकुराद आंबो लावपाक खास करुन मुखार येवचे अशए म्हणला. मानकुराद आंब्याची पिकावळ घेवपाक खडकाळ सुवातीत शएतकी खाते २ लाख रुपया प्रती हेक्टर , जाल्यार हेर सावतीत ६० हजार रुपया प्रति हक्टर ह्या प्रमाण सवलत दिता , ते शिवाय झाडा रोवपाक मारपी खड्डे मारपाखातीर ६०० रुपया प्रती खड्डो अशी सवलत सरकार दिता अशी म्हायती शेतकी मंत्री रवी नायक हंणी ह्यावेळार दिलायह्यावेळार आमदार निलेश काब्राल हांणी शेती करपाच्य प्रमाणात वाड जांवक ना, ती वाडपाची गरज आसा अशे म्हणला. जाल्यार शेतकारांक दिता त्या हमीभावात सराकरान वाढ करची अशी मागणी आमदार वेन्झी वाझ हांणी केला.

## नुस्तेमारी परत सुरु

मडगाव: फाटले दाेन म्हयने गाेंयांत बंद आशिल्ली नुस्तेंमारी आयज फांतोडेसावन परत सुरु जाल्या. आयज पयल्या दिसा दक्षिण गोंयांतल्या कुटबण ह्या जेटीवयल्यान कांय नुस्तेमारी ट्रॉलर नुस्ते मारपाखातीर दर्यात गेल्यात.काल राती १२ वरांचेर ही बंदी उक्ती जाली. फाटले दोन दिस दर्यो थंड आशिल्ल्यान कांयजाणांनी आयज पयल्याच दिसासावन नुस्तेमारीक सुरुवात केल्या अशी म्हायती कुटबण हांगाचे नुस्तेमारांचे फुडारी विनय तारी हांणी दिली.

सध्या नुस्तेमारी मोसम सुरु जाल्लो आसलो तरी अजुनय फावो त्या प्रमाणाचेर भायल्या राज्यांतले कामगार येवंक नात. ते आयल्या उपरांत नुस्तेमारीक अदीक नेट येतलो अशें तांणी सांगलें. वास्काे हांगासावनय कांय नुस्तेमार नुस्तेमारी करपाक भायर सरल्यात अशी म्हायती थळाव्या सुत्रांनी दिली.

## किसान सन्मान

प्रधानमंत्री किसान सन्मान निधी येवजणेचो एप्रिल 2025 ते जुलय 2025 काळाचो 20 वो हप्तो पात्र शेतकारांच्या बँक खात्यांत फाल्या ता. 2 ऑगस्ट 2025 दिसा जमा जातलो. प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी फाल्या वाराणसी हांगा सकाळी 11.00 ते दनपारां 12.00 मेरेन जावपी कार्यक्रमात येवजणेच्या 20 व्या हप्त्याची रक्कम शेतकारांच्या बँक खात्यांत जमा करतले. प्रधानमंत्र्यांच्या ह्या कार्यक्रमाचे https://pmindiawebcast.nic.in/. ह्या लिंकाचेर लायव्ह वेबकास्ट उपलब्ध आसतले.हो दीस प्रधानमंत्री किसान दीस म्हूण पाळटले. वयल्या लिंकावरवीं शेतकांर ह्या कार्यक्रमात सहभागी जातले. प्रधानमंत्री किसान सन्मान निधी येवजण ही भारत सरकाराची एक म्हत्वाची येवजण आसून पात्र शेतकारांक वर्साक 6,000/- ची अर्थीक मजत करपा खातीर प्रधानमंत्र्यानी फेब्रुवारी 2019 वर्सा ह्या येवजणेचो शुभारंभ केल्लो.

## मुरगांव बंदर

मुरगांव बंदर प्राधिकरणाच्या बर्थांचेर कोळसो हाताळपा सयत कोळशाच्या येरादारी प्रमाण मर्यादेचें उल्लंघन आनी ग्रीन सेस फारीक करपावीशी कोटी रुपया वसूल करपाक अपेस आयिल्ल्यान परतून एक फावट विधानसभेंत आयज विरोधकांनी बोवाळ घालो. विरोधी

आमदारांनी “आमका कोळसो नाका” अशे नारे करून सभापतीमुखार वचुन बोवाळ घालो. हाका लागून उपरांत सभापती रमेश तवडकार हांणी 10 मिनटां खातीर सभाघर स्थगीत केले- कोळसो हाताळपा खातीर MPA चे दील्ले बर्थ , परवानगी, थकीत सेस शुल्क, आनी प्रदुशण नियंत्रण मंडळान थारायिल्ल्या मर्यादे परस चड प्रमाणात कोळसो हाताळणी केल्ले खातीर आयज विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी सरकाराक धारेर धरले.

**अंत्रुज पत्रकार**

फोंडाच्या राजीव गांधी कला मंदिरांत अंत्रुज पत्रकार संघाचो तेरावो वर्धापन दीस आनी पत्रकार दीस कार्यावळ मनयली. उक्तावण कार्यावळीक फोंडा नगरपालिकेचो नगराध्यक्ष आनंद नायक, राजीव गांधी कला मंदिराचे वांगडी सचीव निलेश नायक, अंत्रुज पत्रकार संघाचे अध्यक्ष उमेश नाईक, स्पर्धेचे परीक्षक ज्ञानेश्वर नायक, ममता नाईक आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ह्या संदर्भार फोंडा आनी धारबंडोडा तालुक्यांतल्या शाळांखातीर देशभक्ती पंगड गायन सर्त आयोजीत केल्ली. समाई पेटोवन आनी लोकमान्य तिलकाच्या फोटोक माळ घालून ह्या कार्यावळीचें उक्तावण मानेस्तांनी केलें. समाजांतल्या सगळया गजालींचेर उजवाड घालतना पत्रकार सादोती स्वताचे भलायकेचेर आनी कुटुंबाक दुर्लक्ष करून समाजा खातीर वावुरता अशें आनंद नाईक हाणी सांगलें. वांगडी सचीव निलेश नायक हाणी ह्या संदर्भार भाशण केलें उमेश नाईक हाणी कार्यावळीक येवकार दिलो संतोष नाईक हानी उपकार मानले

**दक्षिण गाेंय जिल्हो पं**

मडगाव: दक्षिण गाेंय जिल्हो पंचायतीच्यो अध्यक्ष वेंचून काडपाखातीर जाहीर जाल्ले वेंचणुकेखातीर आज भाजपच्यो उमेदवार अनिता थोरात हांचो एकमेव उमेदवारी अर्ज आयलो. हेखातीर त्यो बिनविरोध वेंचून आयिल्ल्यात जमा जाल्यात. मात हे विशींची अधिकृत घोशणा सोमारा ४ ऑगस्ट दिसा जावपाची आसा.आदल्यो अध्यक्ष संजना वेळीप हांणी आपल्या पदाचो राजिनामो दिल्ल्यान रिते जाल्ले हे पद भरून काडपाखातीर सोमारा वेंचणूक जाहीर केल्ली. आज वेंचणूक अर्ज भरपाचो निमणो दिस आशिल्लो. थोरात हांचो एकूच अर्ज दाखल जालो. थोरात हांच्या अर्जाक आदल्याे अध्यक्ष वेळीप हांणी तेंको दिला.तेआदीं भाजपचे वरिश्ठ फुडारी आनी आदले खासदार विनय तेंडुलकार हांचे

यजमानकेखाला भाजपच्या दक्षिण गोंय जिल्हा◌े पंचायत वांगड्यांची बसका जाली आनी हे बसकेत थोरात हांचे नाव उमेदवार म्हणून जाहीर केले.